Panaji

Regional News

14 nov,2025,7.20pm

<u>मुखेलमंत्री</u>

गोंयात रोजगाराच्यो खुप संद आसात,मात ताचो लाव मेळोवन घेवपाखातीर त्या त्या मळावेले शिक्षण घेवप गरजेचे अशे मत मुखेलमंत्री तशेंच शिक्षणमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.राश्टीय शिक्षण धोरणाची अमलबजावणी खर पणान आनी गांर्भीयान चालीक लावपी गोंय हे देशभरात आदर्श राज्य थारला अशेय मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळर म्हळा.GsCERT कर्मऱ्यांच्या भौमान सुवाळयावेळार ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.फुडल्या 25 वर्सा उपरांतचो एक बरो नागरीक घडोवपात शिक्षण हे प्रभावी माध्यम .शाळांनी विद्यार्थ्यांक बरी शिक्षणपद्धत आपणावन घडोवचे अशेय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला.ह्यावेळार शिक्षण संचालक प्रसाद लोलयकार,GScert ची संचालक मेघना शेटगांवकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

<u>मुख्यमंत्री</u>

बिहारात जाल्या वेचणुकेत लोकांनी NDA सरकाराक स्पश्ट बहुमत दिल्ले खातीर गोयचे मुख्यमत्री प्रमोद सावंत हाणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी बिहारचे मुख्यमंत्री नितिश कुमार हांका परबी भेटयली

<u>सहकार सप्तक उक्तावण</u>

राज्यांतले तरणाटे पिळगेन सहकार, कृषी मळार वावर करप गरजेचे आसा अशें मत सहकारमंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी उक्तायलें. पणजे ७२ व्या राष्ट्रीय सहकार सप्ताकाच्या उक्तावण सुवाळयांत ते उलयताले. ह्या वेळार खात्याचे सचिव यंतीद्र मराळकार, सहकार निबंधक आशुतोष आपटे, नाबार्डचे संदीप धारकार, सतीश मराठे, शरद गांगल आनी हाजीर आशिल्ले.

गोंयांत सहकाराचीं पाळां मुळा ४०० ते ५०० वर्सां आदींसावन आसा. तेन्नाच्या शेतकारांनी एकठांय येवन खाजन शेती सुरू केली. समिती स्थापन करून सामुहीक शेतीचे प्रयोग केल्ले. आयज राज्यांत व्हड सहकार चळवळ उबी रावपाक जाय.

राज्यांत सुमार चार लाख विद्यार्थी आसात. तांकां गरजेचें आशिल्ले शाळेचें सामान सहकाराच्या माध्यमांतल्यान विकपाक मेळपाक शकता, अशें तांणी सांगले.

राज्यांत सहकार आनी  शेतीचो बरोच आदलो संबंद आसा. राज्यांतली एक हजार हॅक्टर जमीन लागवडी खाला हाडपा खातीर आमी यत्न करतात,  अशें तांणी म्हणलें.

काणकोणा सरदार युनिटी मार्च

मडगाव: भारत सरकाराच्या युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान आनी गोंय सरकाराच्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 'माय भारत' च्या सहकारान घडोवन हाडिल्ली 'सरदार @150 – युनिटी मार्च' कार्यावळ आयज काणकोणां येसस्वीपणान संपन्न जाली.

देशाच्या एकचाराचो संदेश दिवपी आनी तरणाट्यांक राष्ट्र उबारणेची प्रेरणा दिवपी ह्या कार्यावळीत व्हडा प्रमाणांत तरणाटे अानी विद्यार्थी सामील जाल्ले.

ह्या कार्यावळीचे मुखेल सोयरे गोंय राज्याचे खेळ आनी युवा वेव्हार मंत्री रमेश तवडकर आशिल्ले. खेळां आनी युवा वेव्हार खात्याचे कार्यकारी संचालक अजय गावडे, माय भारतचे प्रतिनिधी कालिदास घाटवळ, तालुका खेळां अधिकारी प्रकाश सतरकार, काणकोणचे खेळां अधिकारी रुपेश तवडकार, श्रीस्थळ पंचायतीच्यो सरपंच सेजल गांवकार आनी हेर मानेस्त ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

ह्या कार्यावळीक मार्गदर्शन करतना मंत्री तवडकार हांणी सांगले की, विकसीत भारताचें सपन साकार करपाक तरणाट्यांची भुमिका खूब म्हत्वाची आसा. अशा कार्यावळींतल्यान तरणाट्यांक प्रेरणा दिवप, प्रोत्साहन दिवप आनी सक्रीयपणान राष्ट्र निर्मितींत वांटो घेवप हो आमचो हेत आसा. देशांतल्या सगल्या राज्यांक एकठांय हाडपा खातीर सरदार वल्लभभाई पटेल हांणी केल्लो वावर विसरूंक जायना अशें तांणी सांगलें

गोंय पर्यटन खाते

1)गोंय पर्यटन खाते , पर्यटन उदरगत महामंडळ हांचेवतीन हरवळे साखळीतल्या श्री रुद्रेश्वर देवस्थान तशेच हरवळे धबधब्याच्या सौंदर्यकरण कामांचो शिलान्यास सुवाळो फाल्या 15 नोव्हेंबर 2025 या दिस सकाळी 10 वरांचेर जातलो. या सोहळयाक मुखेल सोयरे म्हणून मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले.तांच्या सांगतान खासदार आणि केंद्रीय राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक ,पर्यटन मंत्री रोहन खवटे, राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तानावडे, भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक, आमदार केदार नाईक ,सांखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू आनी हरवळे  रुद्रेश्वर देवस्थानचे अध्यक्ष यशवंत माडकर हजर आसतले.

2)गोंय सरकारच्या पर्यटन महामंडळ चे वतीन मये  मतदारसंघात नार्वे हांगासर श्री पंचगंगा तीर्थार गोमंत सरिता दर्शन या धार्मिक आनी अध्यात्मिक प्रकल्पाचो भूमिपूजन सुवाळो फाल्यां 15 नोव्हेंबर 2025 या दिस दनपारा बारा वरांचेर जातलो .या सोहळयाक मुखेल

सोयरे म्हणून मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले.तांच्या सांगतान राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तानावडे ,पर्यटन मंत्री रोहन खवटे, आमदार केदार नाईक आनी मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट  हजर आसतले.

शिरोडाच्या ओंकार

शिरोडाच्या ओंकार सर्वजनिक गणेशोत्सव मंडळ सभाघरांत हालींच सर्गेस्त मंत्री रवि नायक हांकां श्रद्धांजली दिवपाची कार्यावळ जाली. आदलो मंत्री महादेव नायक हांणी ही कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्या वेळार भंडारी समाज फुडारी दीक्षक नायक, संजीव नायक, काशीनाथ मयेकर, आदलो आमदार श्याम सतरडेकर, आदलो मंत्री महादेव नायक, निलेश नायक, विनोद नायक, मनिला नायक, श्रीकांत नायक, गोरखनाथ केरकार आनी हेर मानेस्त हे कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले. रवी नायक हांच्या फोटोक माळ आनी फुलांचीं पाकळयां अर्पण करून मानेस्तांनी श्रद्धांजली दिली. ह्या वेळार उलयतना मंत्री महादेव नायक हांणी सांगलें, कांय वर्सां आदीं शिरोड्यांत गुंडगिरी थांबवपाक मंत्री रवी नायकाचें व्हड योगदान आशिल्लें.

सहकारी क्रेडीट सोसायटी

दक्षिण गोंय जिल्लो मडगांव शाळा संकुल सहकारी क्रेडीट सोसायटी लि. वातीन दहावी आणि बारावीच्या टॉपर विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती, यादस्तीक आनी प्रमाणपत्रां दिवन भोवमान करतले. तशेंच फोंडा तालुक्याच्या सगल्या शिक्षणीक संस्थांक शिक्षणाच्या मळार तांणी केल्ल्या  सेवे खातीर पदकां दितले. ही कार्यावळ गोंय राज्य शेतकी उत्पादन विपणन मंडळ, बेतोडा-फोंडा हांगाच्या वैभव बहुउद्देशीय सभा घरात आयतार १६ नोव्हेंबर २०२५ रोजी सकाळी १०.०० वरांचेर जातली.ह्या वेळार राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तनावाडे, मुखेल सोयरो म्हूण हाजिर आसतले तशेच. गोंय सरकाराचे आदले खासदार आनी प्रवासी भारतीय वेव्हार आयुक्त नरेंद्र सावाईकार खास सोयरे म्हूण हाजीर आसतले.
फोंडा तालुक्याच्या विद्यार्थ्यां मदीं शिक्षणीक उत्कृश्टताय वाडोवपा खातीर  हो अभिनंदन सुवाळो आयोजीत केला.
सुमार ४५ वर्सां आदीं स्थापन जाल्ली दक्षिण गोंय जिल्लो मडगांव शाळा संकुल सहकारी पत संस्था ही दक्षिण गोंयांतली एक विस्वासपात्र आनी नामनेची पत संस्था. पुराय दक्षिण गोंय जिल्ह्यांत पारदर्शकपणान वावुरपी हे सोसायटीचें सध्या ₹3.73 कोटी परस चड शेअर भांडवल आसा आनी तातूंत 2,200 परस चड वांगडी आसात.

खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय 69व्या राष्ट्रीय शाळा खेळां चॅम्पियनशिप 2025 खातीर गोंय राज्य पंगडां खातीर प्रतिनिधीत्व करपा खातीर तायक्कोंडो अंडर-17 चले/चली, बुध्दिबळ अंडर-17 चले/चली आनी जलतरण अंडर-14, 17 आनी 19 चले/चली हांचे मदीं निवड चांचण्यो करतले.17 नोव्हेंबर 2025 दिसा तायक्कोंडो आनी बुध्दिबळ अंडर/17 चलयां खातीर आनी 18 नोव्हेंबर 2025 दिसा तायक्कोंडो आनी बुध्दिबळ अंडर/17 चलयां खातीर एसएजी मल्टीपर्पज इनडोर हॉल, फातोर्डा हांगा सकाळीं 9.30 ते 10.30 वरांचेर निवड चांचण्यो जातल्यो.

तेच प्रमाण स्विमिंग पूल, कॅम्पल हांगा 17 नोव्हेंबर 2025 दिसा सकाळीं 9.30 ते 10.30 वरांचेर जलतरण अंडर 14, 17 आनी 19 चले आनी 18 नोव्हेंबर 2025 दिसा जलतरण अंडर/14, 17 आनी 19 चलयां खातीर. तेच खातीर प्रभारी श्री पादुरंग नायक, एपीईओ – 8830681588 आनी श्री प्रकाश सतारकर, अधिकारी एपीईओ – 7972343696 आसतले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 22.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले अशे वेधशाळेन कळीत केला